# प्रादेशीक खबरो ९ फेब्रुवारी २०२५ सांजेची ७.२० वरां

## मुखेल खबरो

- प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी फाल्या ११ वरांचेर देशभरांतल्या विद्यार्थी , पालक आनी शिक्षकांकडेन ' परीक्षा पे चर्चा ' कार्यावळीतल्यान संवाद सादतले.

- पयशे दुपेट करपाच्या नादांत लोकांनीं समाज माध्यमांतल्यान येवपी बोगस कंपनीच्या वेव्हाराक बळी पडून फवटचे न्हय असो उलो गोंय पुलिशेचे गुन्यांव फाट्याचे पुलिस अधिक्षक हांणी मारला.

- शालान्त मंडळा वतीन जावपी बारावीची परीक्षा फाल्या सोमार सावन सुरू जाता.

- आयज गोंयभरातल्या देवळांच्यो नव्यो समित्यो घडोवपा खातीर वेंचणुको जाल्यो.

---------

## □रीक्षा □ चर्चा - सुभाष १५५

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी फाल्या ११ वरांचेर देशभरांतल्या विद्यार्थी , पालक आनी शिक्षकांकडेन ' परीक्षा पे चर्चा ' कार्यावळीतल्यान संवाद सादतले. ओंदू ह्या कार्यावळीची आठवी आवृत्ती. परिक्षेची तयारी, ताण वेवस्थापन, आनी विद्यार्थ्यांची वैयक्तीक जडण घडण हांचे विशीं प्रधानमंत्री आपले विचार मांडटले. ह्या कार्यावळींत देशभरांतले वेंचीक विद्यार्थी प्रधानमंत्र्यांक प्रस्न विचारतले. दूरदर्शना वरवीं डीडी नॅशनल, डीडी न्यूज आनी डीडी इंडिया वरवीं हो कार्यक्रम लायव्ह प्रसारीत जातलो. तशेंच रेडिओ चॅनलांचेर लायव्ह प्रसारणा वरवीं आकाशवाणी एफएम चॅनल , पीएमओ, एमओई, मायगॉव्ह डॉट इन युट्युब चॅनलांचेर लायव्ह वेब स्ट्रीमिंग, फेसबूक लायव्ह, दिक्षा, पीएम ई विद्या आनी एमओईच्या स्वयंप्रभा चॅनलांचेर ही कार्यावळ उपलब्ध जातली.

राज्यभरांतल्या चडांत चड विद्यार्थ्यांक, पालकांक आनी शिक्षकांक मानादीक प्रधानमंत्री हांची ही कार्यावळ पळोवपाक शक्य जावंचे म्हूण शाळा व्यवस्थापनानी खासा व्यवस्था करची अशी सुचोवणी शिक्षण संचालक शैलेश झिंगडे हांणी दिल्या. विद्यार्थ्यां वांगडा लायव्ह प्रसारण पळोवपा खातीर, संसदेचे वांगडी, विधानसभेचे वांगडी, पंच वांगडी, नामनेचे व्यक्ती, निवृत्त अधिकारी आनी पालक अशा भौशीक प्रतिनिधींक शाळेंत आपोवचे अशेंय ह्या परिपत्रकांत म्हळां.

**राहुल गुप्ता - रश्मी १५०**

सध्या स्टोक एक्सचेंजींच्य गुंतवणुक करपाच्या नावान ओनलायन पध्दतीन पैशे लुटुन लोकांक तोपी घालपाचे प्रकरणा वाडल्यात. पैशे दोबरात करपाच्य नादान , वा चड कळंतर मेळवपाच्या नादान लोकांनी अशा फेसबुक, इन्साग्राम , वोटस एप, तशेंच हेर समाज माध्यमातल्यान येवपी बोगस कंपनीच्या वेवहाराक पडुन फसचे न्ही अशे आवाहन गोंय पुलिशेचे क्रायम ब्रांचीचे पुलिस अधिक्षक राहुल गुप्ता हांणी केला. रायबंदर क्रायम ब्रांचीत घेतिल्या पत्रकार परीशदेत ते उलयताले. तशेंच पैसाचो हावेस दाखोवपी लिन्क वा मेसेजिंक भुलचे न्ही अशेय आवाहन तांणी केला.

गोंयातल्या एका चलयेक मस्कट कामाक लायता म्हण सागुंन मनीस तस्करी केल्याखातीर फरार अशिल्या तिसऱ्या गुन्हायवकाराक गोंय पुलिशेन अटक केला, आंध्र प्रदेशाचो एक्रम अली शेख ह्या 43 पिराय वर्साच्या दादल्याक गोंय पुलिशेच्या पंगडान चेन्नय वचुन अटक केल्याची म्हायती गोंय पुलिशेच्या क्रायम ब्रांचीचे पुलिस अधिक्षक राहुल गुप्ता हांणी दिल्या.

जाल्यार मडगांवचो एक 52 वर्सा पिरायेच्या सचिन जोगळएकार ह्या दादल्याक चायल्ड पोनोग्राफीखातीर अटक केला . ह्या दोन्हुय प्रकरणाचो फुडलो तपास पुलिस करतात अशी म्हायती तांणी दिल्या.

**बारावीची �रीक्षा १८५ गणेश**

शालान्त मंडळातर्फे जावपी बारावीची परीक्षा फाल्या सोमार सावन सुरू जाता. अंदू 17718 विद्यार्थी बारावेची परिक्षा दितले. फाटल्या वर्साचे तुळेन अंदूं 207 विद्यार्थी चड आसा. बारावेची परिक्षा 10 फेब्रुवारी ते 1 मार्च मेरेन चलतली.

इकरावेक नापास जाल्ले 157 विद्यार्थी अंदूं थेट बारावीचे परिक्षेक बसतले. दर वर्सा 10 ते 12 विद्यार्थी थेट बारावेची परिक्षा दिता. अंदूं हो आंकडो वाडला. शालान्त मंडळाचे अध्यक्ष भगीरथ शेट्ये हांणी ही म्हायती दिली. इकरावेक नापास जावन लेगीत खासगी विद्यार्थ्यांच्या गटांत परिक्षेक बसपी विद्यार्थ्यांचो आकडो अंदूं वाडला. तशेंच आयटीआय जाल्ले 50 विद्यार्थी अंदूं बारावेची परिक्षा दितले. हो आंकडो नेमीत (रेगुलर) परिक्षा दिवपी विद्यार्थ्यांच्या आंकड्यांत जमेक धरलो वच्चो ना. कला शाखेत 4076 विद्यार्थी, वाणीज्य शाखेत 5092 विद्यार्थी,

विज्ञान शाखेत 6095 जाल्या वेवसायीक शाखेत 2455 विद्यार्थी परीक्षेक बसतले.अंदूं बारावेची परिक्षा 10 फेब्रुवारी 2025 सावन सुरू जाता. फाटल्या वर्सा (2024) 17511 विद्यार्थी परिक्षेक बशिल्ले. अंदूं 207 विद्यार्थी चड आसात. दर वर्सा विद्यार्थ्यांचो आंकडो बदलत आसता. विद्यार्थ्यांच्या आंकड्यांत चड फरक पडूंक ना, अशें मंडळाचे अध्यक्ष भगीरथ शेट्ये हांणी सांगलें.सगले विशय घेवन (रिपीटर) परिक्षेक बसपी विद्यार्थ्यांचो आंकडो 36 आसा. हातूंत 20 विद्यार्थी आनी 16 विद्यार्थिंनी आसात. तशेंच कांय विशय घेवन (रिपीटर)

परतून परिक्षेक बसपी विद्यार्थ्यांचो आंकडो 828 आसा. पयलींच्या निकालांत सुदारणा (इम्प्रुमेंट) करपा खातीर 17 विद्यार्थी परिक्षेक बसतले.

**देवळां वेंचणुक**

आयज गोंयभरातल्या देवळांच्यो नव्यो समित्यो घडोवपाखातीर वेंचणुको जाल्यो. सकाळी धां वरां सावन ही प्रक्रिया सुरू जाल्ली. ह्यो वेंचणुको शांत आनी सुरळीतपणान जाल्यो. दक्षिण गोंय जिल्होधिकाऱ्यांनी उपजिल्होधिकारी, जिल्होधिकारी आनी देवळांच्या प्रशासकांक कायदो आनी सुवेवस्था राखली.

वेंचणुकेचे प्रक्रियेंत उपजिल्होधिकाऱ्यांनी तशेंच देवळांच्या प्रशासकांनी आपल्या-आपल्या वाठारांत कायदो आनी सुवेवस्था दवरपा खातीर गरजेचीं पावलां उभारलीं.

कसलीच अप्रिय घडणूक घडची न्हय म्हूण संबंदीत पुलीस स्टेशनां कडेन समन्वय दवरिल्लो. खंयचीय गुप्तचर म्हायती मेळ्ळी जाल्यार ती रोखडीच पुलिसांक आनी संबंदीत कार्यकारी दंडाधिकाऱ्याक कळोवपाक तशेंच कायदो आनी सुवेवस्था मोडची न्हय म्हूण संबंदीत वाठारांनी पुलिसांची नेमणूक केल्ली.
वेंचणुके खातीर नेमिल्ल्या वेंचणूक निरिक्षकांनी देवळां नी हाजीर रावून मुक्त आनी शांततायेन वेंचणूक जावचे खातीर शिटूकसाण सांबाळिल्ली दिश्टी पडली.

**राजेश १२५**

मुख्यमंत्री डॉक्टर प्रमोद सावंत हांच्या पुढारपणाखालां गोंय सरकार दिवचल मतदार संघात उदरगतीची विंगड विंगड कामां करीत आसा. येणाऱ्या काळांत याच उदर्गतीच्या कामावर वरवीं दिवचल मतदार संघाक गोंयातलो एक आदर्श मतदारसंघ करपाचो आपलो यत्न आसा अशें मत दिवचल मतदार संघाचे आमदार डॉक्टर चंद्रकांत शेट्ये हाणीं उक्तायला.

दिवचल मतदार संघात भौशीक बांधकाम खात्याचे वतीन लाडफें हांगसर फणसवाडी पेडा कडे रस्तो आनी साकव बांधकाम कामाक सुरुवात जाली .सुमार एक कोटी रुपया खर्च करून हे प्रकल्प पुराय जातले .साकव बांधकाम कामाखातीर 30 लाख रुपया खर्च जातले. त्या कामाच्या शुभारंभ सोहळ्यात आमदार शेट्ये उलयताले. हे वेळार जिल्हा पंचायत वांगडी प्रदीप रेवडकर ,पंच वांगडी पद्माकर मळीक ,भौशीक बांधकाम खात्याची पालवी अभियंता रश्मी मयेकर, महेश गावस हजर आसले. हे वेळार प्रदीप रेवडकर आणि महेश गावस हाणीं आपले विचार व्यक्त केले.

**□डणें: २५०**

तुयेंच्या हॉस्पिटलांचे बेगोबेग उक्तावण करून लोकांची वेवस्था करची अशे तरेचे मागणेचें निवेदन तुयें हॉस्पिटल नागरीक समितीच्या वतीन शुक्रारा भलायकीमंत्री विश्वजीत राणे हांकां दिलें. ह्या वेळार पेडणें मतदारसंघाचे आमदार प्रवीण आर्लेकार हेय हजर

आशिल्ले. तशेंच दिवचल मतदारसंघाचे आमदार डॉक्टर चंद्रकांत शेट्ये, तुयें हॉस्पिटल नागरीक समितीचे पदाधिकारी निमंत्रक जोसे लोगो, भास्कर नारुलकार, तुळशीदास रावत, रोहिदास हरमलकार , भलायकी खात्याचे अधिकारी हजर आशिल्ले.

भलायकी मंत्री विश्वजीत राणे हांणी आपूण हातूंत विशेश लक्ष घालून, हे हॉस्पिटल बेगीनूच तयार करतलों. तशेंच फुडलेय सोपस्कार बेगीनूच पुराय करतलों, अशें आस्वासन तांणी कृती समितीक दिलें.

फाटल्या कितल्याशाच वर्सां सावन ह्या हॉस्पिटलाचें काम आडकून आसा. सरकारान आतां मेरेन हे इमारतीचेर करोडांनी पयशे खर्च केल्यात. मात तें आजनय थळाव्या लोकां खातीर उक्तें करूंक ना. हें हॉस्पिटल बेगोबेग सुरू जावचें आनी पेडणेंच्या लोकांची वेवस्था जावची हे खातीर तुयें हॉस्पिट कृती समितीन चळवळ उबारल्या.

हें हॉस्पिटल आतां तरी पुराय करचें अशें हांगचे जनतेनूच चळवळ सुरू केल्या.

हाका लागू भलायकी मंत्री विश्वजीत राणे हांची तांणीभेट घेवन तुयेंचे हॉस्पिटल कृती समितीन निवेदन सादर केलें आनी हें हॉस्पिटल जीएमसी सारकेंच चलचें आनी बेगबेग सुरू करचें अशी मागणी केल्ल्याची म्हायती कृती समितीचे जुझे तशेंच भास्कर नारुलकार, रोहिदास हरमलकार आनी हेर पदाधिकाऱ्यांनी केल्ल्याची म्हायती दिली.

**वेदांता - राजेश १००**

मूल्यवर्धित व्यवसायाखाला वेदांताच्या बी .ए .बी .च्या वतीन डिजिटल शिक्षण क्षेत्रात दोळे दीपकावपी काम चालू आसा .विद्यार्थ्यांक संगणक शिक्षण क्षेत्रात घटमुट करप हें कंपनीचे लक्ष्य आसा. नंदघर येवजणेखाला डिजिटल उपक्रमा अंतर्गत आठ शाळा आनी अंगणवाडी हांका सामावून घेतला .हे येवजणेखाला साखळी मतदारसंघातल्या भंडारवाडा आमोणे हांगसर सरकारी मुळाव्या शाळेंत हालींच एक कार्यावळ घडोवन हाडली.

हे कार्यावळीक वेब चे मुख्य कार्यकारी अधिकारी सप्तेश सरदेसाई ,अमोणें ग्रामपंचायतचे सरपंच सागर फडके ,नावेली ग्रामपंचायतीचे पंच वांगडी कालिदास गावस हजर आसले. समाजाच्या सर्वांगीण विकासाखातीर कंपनी विंगड विंगड येवजण्यो चालीक लायता

**हवामान १५०**

हवामान बदलाचो परिणाम बरोच नेटान वाडतूच आसा. हवामान खात्याच्या म्हणण्या प्रमाण, अंदू वसंत ऋतू न्हय, सरळ गिमाळें सुरू जातलें. आयएमडीचे महासंचालक डॉ. मृत्युंजय महापात्रा हांणी, ‘फेब्रुवारीच्या निमाण्या सप्तकांत वा मार्चचे सुरवातेकूच गिमाळें जाणवपाक लागतलें.

हवामान विभागाच्या अंदाजा प्रमाण फेब्रुवारींत वायव्य, मध्य आनी पूर्व भारतांतल्या चडश्या भागांत सामान्या परस २०% उणो पावस पडटलो. पावस नाशिल्ल्यान हवेंत आर्द्रता उणी जातली आनी तापमान नेटान वाडटलो. अशे परिस्थितींत फेब्रुवारींत तापमान सामान्या परस चड

उरपाची शक्यताय आसा. दक्षीणेंतल्या राज्यांनी तापमान पयलींच सामान्या परस चड आसा. फेब्रुवारींत हांगचो तापमान ३०-३२ अंश सेल्सियस असो आसता. ह्या वेळार तो ३३-३७ अंशां मेरेन पावलो. हवामानशास्त्रज्ञांच्या मतान, ह्या बदलाचें मुखेल कारण ला-निना परिस्थिती आसा.

दयारच्या पृश्ठभागाचे परिस्थितीचो संवसारभरांतल्या हवामानाचेर परिणाम जाता. पॅसिफीक महासागरांतल्या पृश्ठभागाचे तापमान सामान्यां परस उणें जालां. हाका लागून जानेवारींत निनाची परिस्थिती हाल्ली. ह्या एप्रिल मेरेन तिगपाक शकता. मे म्हयन्या सावन इनसो न्यूट्रल परिस्थिती विकसीत जातली, जी सप्टेंबर मेरेन उरतली. ह्या काळांत, ला-निना वा एल निनो परिस्थिती उरची ना.